Panaji national news

14 Aug 2026,6.30pm

70 राष्ट्रपती

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू , स्वातंत्र्य दिसाच्या पुर्वसंध्येर म्हल्ल्यार आयज देशाक संबोधीत करतल्यो . राष्ट्रपतीचें संबोधन सांजवेळा 7 वरांचेर आकाशवाणीच्या पुराय राष्ट्रीय नेटवर्काचेर प्रसारीत जातलें. तशेंच दूरदर्शनाच्या सगळ्या चॅनलांचेर हिंदींतल्यान प्रसारीत जातले. उपरांत इंग्लीशीतल्यान प्रसारीत जातले . दूरदर्शनाचेर हिंदी आनी इंग्लीशींतल्यान ह्या संबोधनाचें प्रसारण जाले उपरांत दूरदर्शनाच्या प्रादेशिक चॅनलांचेर प्रादेशिक भाशांनी प्रसारण जातलें. आकाशवाणी वरवी आपल्या प्रादेशिक नेटवर्कांचेर रातच्या 9:30 वरांचेर हे भाषण प्रादेशिक भाशेनी प्रसारीत जातले .

१२० स्वातंत्र्यदिस

देश फाल्या ८० वो स्वातंत्र्यदिस मनयता. त्या निमतान प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी दिल्लीतल्या लाल किल्ल्यावयल्यांत या सुवाल्याच्ये फुडारपण करतले. भारतीय हवाई दलाच्या दोन एमआय-१७ हेलिकॉप्टरा वरवी कार्यावळीच्या जाग्यार फुलांच्या पाकळयांचो वर्षाव करतले. राष्ट्रध्वज हुबयल्या उपरांत प्रधानमंत्री देशाक संबोधित करतले. ह्या सुवाळयात लष्कर, नौदल आणि हवाई दलाचे एकूण २५०० दादले आणि बायला कॅडेट्स तश्येच 'माय भारत'चे स्वयंसेवक वाटेकार जातले. लाल किल्ल्यावयलो हो सुवाळो पळोवपाक वेगवेगळया वाठरातले सुमार पाच हजार खासा सोयऱ्याक आमंत्रित केल्यात .हातून पीएम विश्वकर्मा योवजनेचे कारागीर, पीएम मुद्रा योवजनेचे बायला उद्योजिका, पीएम स्वनिधी योजनेचे पथविक्रेते आनी भारत टॅक्सीचे टॅक्सी चालक हाचो आसपाव आसा. ह्या जागेर कडक सुरक्षा तैनात केल्या.

'अमृत उद्यान समर

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी आयज राष्ट्रपती भवन परिसरात आयोजित 'अमृत उद्यान समर ॲन्युअल्स एडिशन २०२६' च्या उक्तावण सुवाल्याक हजेरी लावली .अमृत उद्यान आयतार सावन पुढल्या महिन्याच्या १५ तारखे मेरेन सर्वसामान्यांखातीर उक्ते आसतले. उद्यान सकाळी १० ते सांजे ६ वरामेरेन उक्ते आसतले आनी निमणो प्रवेश साजे ५ वरा मेरेन आसतलो. देखभाली खातीर उद्यान सोमारा बंद रावतले. . आयज देशाक जें स्वातंत्र्य मेळ्ळां तें आदल्या पिळग्यांच्या व्हड बलिदानांतल्यान आयलां अशें उपराष्ट्रपती सी.पी.राधाकृष्णन हांणी सांगलां.

उपराष्ट्रपती 50

आयज नवी दिल्लींत फाळणी दिसाची य्याद करपी कार्यावळीक संबोधीत करतना श्री राधाकृष्णन हांणी सांगलें की, राष्ट्राची अखंडताय सांबाळप आनी तिगोवन दवरप आनी त्या त्यागां वरवीं मेळिल्ल्या स्वातंत्र्याक मान दिवप हें दरेका नागरिकाचें मुखेल कर्तव्य आसा. फाळणेच्या वेळार घाडील्यो घडणुको मातृभूमिंत परत केन्नाच घडूंक फावना अशें तांणी सांगलें.

३० उपराष्ट्रपती

उपराष्ट्रपती सी पी राधाकृष्णन आयतारा सावन तमिळनाडूक दोन दिसांच्या भोवडेर वतले. ह्या भेटी वेळार ते चेन्नय, चेंगलपट्टू, तिरुवरूर आनी तंजावूर हांगाच्या शिक्षणीक, यादस्तीक आनी साहित्यीक कार्यावळींच्या माळेंत वांटो घेतले.

50 नौकानयन

भारतीय नौदळाचे नौकानयन प्रशिक्षण जहाज आय. एन .एस सुदर्शनी, सध्या सुरू आशील्या 'लोकायन २०२६' मोहिमेचो भाग म्हुण पोर्तुगालच्या अझोर्स हाग्च्या पोंटा डेलगाडा बंदरात दाखल झाला. संरक्षण मंत्रालयान दिल्या माहितीप्रमाण , हे जहाज काल थय पावला . अमेरिकेतल्या बोस्टन हागचान सुरू झाल्लो अटलांटिक महासागरातलो १९ दिसांचो आव्हानात्मक दर्यातलो प्रवास ह्या जहाजान यशस्वीपणान पुराय केलो.

गिरिराज सिंग

केंद्रीय कापड मंत्री गिरिराज सिंग हाच्या अध्यक्षतेखाला आयज नवी दिल्लींत  जाल्ल्ले बसकेंत कापड वाठाराची  एकंदर उदरगत, स्पर्धात्मकता वाडोवप, आनी संवसारीक मळार भारताची सुवात आनीक घटमूट करपा संबंदीत म्हत्वाच्या विशयांचेर चर्चा जाली .

80 संरक्षण मंत्री खेळ

स्कॉटलंडांतल्या ग्लासगोंत हालींच जाल्ल्या राष्ट्रकुल खेळांत 16 पदकां - 8 भांगरा, 7 रुपें आनी एक कांस्य पदक - मेळोवपी भारतीय लश्करी पंगडाच्या वांगड्या कडेन आयज संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी संवाद सादलो.ह्या संदर्भार उलयतना संरक्षण मंत्र्यानी  आंतरराष्ट्रीय खेळां सर्तींत शारिरीक आनी मानसीक दबाव आसताना लेगीत   देशाक  अभिमान  दिसपासारखी कामगिरी केल्याखातीर भारतीय संरक्षण दळाच्या  खर इत्साशक्तची तोखणाय केली. हे खेळगडे सैनिक आनी चॅम्पियन हांचो परिपूर्ण मेळ आशिल्ल्यान लोकांक, खास करून तरणाट्यांक प्रेरणा दिवपी आसात अशें तांणी म्हटला.

हवामान

फुडल्या दोन दिसांत दिल्ली, हरियाणा, चंडीगढ, पंजाब, अस्तंत मध्य प्रदेश, मध्य महाराष्ट्र, ओडिशा, विदर्भा, उपहिमालयन अस्तंत बंगाल आनी भारताच्या ईशान्य वाठारांनी व्हड प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय आसा.आय एम डी च्या म्हणण्या प्रमाण जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, बिहार, उदेंत राजस्थान, कोंकण, गोंय, केरळ, माहे, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल हांगाय फाल्यां मेरेन व्हड प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय आसा.